# संस्कृती भवनात बालनाटयाचो प्रयोग

ता. 3 जानेवारी 2019
13 पौष 1940

कला आनी संस्कृती संचालनालयान महात्मा गांधीजीच्या 150 व्या जयंती कार्यक्रमाचो एक भाग म्हुण ता.8 जानेवारी 2019 दिसा सांजवेळा 4.30 वरांचेर संस्कृती भवन पाटो-पणजी हांगा बाल नाटयाचो प्रयोग आयोजित केला. युसूफ मेहराली केंद्रावतीन ''इस देश को रखना मेरे बच्चो संभाल के'' हे बालनाटय सादर करपात येतले. भद्रेश्वर-कच्छ हांगाचे युसूफ मेहराली केंद्र नुस्तेमारी समाजातल्या भुरग्यांच्या विकासाखातीर वावर करता. हया केंद्रावतीन समाजाचो शिक्षणिक विकास करपाखातीर प्रयत्न करपात येता.

सांस्कृतीक कार्यक्रमाचो भाग म्हुण केंद्रान बालनाटयाची निर्मिती केल्या. गुजरात हांगा जाल्ल्या जिल्हो पातळीवयल्या बालनाटय सर्तीत हया बालनाटयाक पयलो पुरस्कार फावो जाला.

हया बालनाटयाचो प्रयोग सगळयांखातीर उक्तो आसा.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2019/07